आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date : 10/06/2025    6.30 PM

राष्ट्रीय  खबरो

राष्ट्रीय तंत्रीक कापड मोहीम आनी उत्पादन संबंदीत प्रोत्साहन (पीएलआय) येवजणे सारकिल्या मुखेल उपक्रमांक लागून देशांतल्या तंत्रीक कापड क्षेत्रांत नेटान वाड जाल्या अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. सरकारान केल्या यत्नांक लागून देशी उत्पादनाक चालना मेळटा, नवनिर्माणाक चालना मेळटा आनी निर्गतीत वाड जाल्या कारणंन  भारत तंत्रीक कापड मळार संवसारीक फुडारी म्हूण उदेता अशे प्रधानमंत्री मोदी हांणी कापड मंत्री गिरिराज सिंग हांचे सोशल मिडियाचेर शेअर केल्ल्या पोस्टाक जाप दितना सांगले .

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी फाटल्या इकरा वर्सांत भारताच्या संरक्षण क्षेत्रांत जाल्या उल्लेखनीय परिवर्तनाचेर भर दिला. देशान आधुनीकीकरण आनी संरक्षण उत्पादनांत स्वावलंबनाचेर भर दिलो . देश घटमूट करपाचो संकल्प घेवन देशांतले नागरिक एकठांय येतात तें पळोवन आपणाक खोशी जाता अशें मोदी हांणी सोशल मिडियावेल्या संदेशांत म्हणलां.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला फाटल्या इकरा वर्सांत भारताच्या संरक्षण क्षेत्रांत इतिहासीक बदल जाल्यात अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी  सांगलां. घटमूट शिमो, आधुनीक सशस्त्र दळ, स्वदेशी शस्त्रां, संरक्षण उत्पादनांची विक्रमी निर्गत, संवसारीक आत्मविस्वास आनी आत्मनिर्भरताये दिकेन पावला मारप अश्या उतरांनी  राजनाथ सिंग हाणी  फाटल्या 11 वर्सांत संरक्षण क्षेत्रांतल्या उदरगतीचे वर्णन केलां.

भारतांत खेळां मळार मुळाव्या साधनसुविधांचो विस्तार जाल्ल्यान देश संवसारीक खेळां महाशक्त जावपाचे दिकेन मुखार वता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.  केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया हाणी बरयल्या लेखांत फाटल्या 11 वर्सांत भारताच्या खेळां मळार मुळाव्या साधनसुविधांचो उल्लेखनिय बदल जाला .युवा  वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयाचें अर्थसंकल्पत फाटल्या दशकांत तिप्पटी  परस वाड जालां अशें तांणी सांगलें. 2047 मेरेन विकसीत भारताच्या दृश्टीकोना प्रमाण वताना  खेळ देशाचे वाडीक आकार दिवपी एक शक्त म्हणून उदेतात अशें श्री मंडवीया हाणी  सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारतीय खेळ संवसारीक मळार नवी उंचायेचेर वतात अशें तांणी सांगलें.

केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी समावेशक पर्यावरण यंत्रणा तयार करपाक शास्त्रज्ञ, नवनिर्माते आनी धोरणकर्त्यांक ही बरी संद आसा अशें सांगलां. हैदराबादांत जाल्ले आंतरराष्ट्रीय तरणाटे शास्त्रज्ञ परिशदेंत आनी ग्लोबल यंग अकादेमीचे वर्सुकी बसकेंत ते उलयताले. शिक्षण मंत्री प्रधान हांणी विकसीत भारत आनी मनीस केंद्रीत उदरगती खातीर काम करपाचो उलो शास्त्रज्ञांक मारलो. वसुधैव कुतुंबकम – एक धर्तरी, एक कुटुंब, एक फुडार – हो फकत नारो न्हय तर भारताचे जिणेची पद्दत आसा अशे भारताच्या संस्कृतायेच्या मुल्यांचेर भर दितना ताणी सांगलें . भारत सहानुभूती, नैतीकता आनी समतावादी विज्ञानाचेर विस्वास दवरता अशें ताणी मुखार सांगलें.

पाकिस्ताना कडेन आशिल्ल्या लागींच्या संबंदाच्या संदर्भांत चीन आतंकवादाच्या आड झुजांत अस्पश्टताय वा दुविधा सोंसूंक शकना अशें परराश्ट्र मंत्री डॉ. आतंकवाद हो सगळयां खातीर चिंतेचो प्रस्न अशें तांणी फुडें सांगलें. फ्रांसाक भेट दितना फ्रेंच दिसाळयाक दिल्ले मुलाखतींत डॉ.भारताची लढत आतंकवादा आड आसा आनी खंयच्याच विशिश्ट देशा कडेन न्हय अशें तांणी फुडें सांगलें. पाकिस्तान आतंकवाद्यांक आलाशिरो दिता आनी तांकां आदार दिता जाल्यार भारत आतंकवादाचेर शून्य सहिश्णुताय दवरता अशें डॉ जयशंकर हांणी नदरेक हाडलें. आतंकवाद्यांनी भारताचेर हल्लो केल्यार पाकिस्ताना सयत खंयच्याय सुवातेर तांची शिकार जातली अशें तांणी फुडें सांगलें.र भूराजनीतीक प्रस्नांचेर चर्चा करतना डॉ. फकत उलोवपा वरवीं शांतताय मेळूंक शकता म्हणून भारतान मॉस्को आनी कीव ह्या दोनूय देशां कडेन उलोवणी केल्या अशें तांणी नदरेक हाडलें. फुडल्या म्हयन्याच्या णव तारखेक दर स्थगिती सोंपचे पयलीं अमेरिके कडेन वेपार कराराचेर कबलात करपा विशीं तांणी आशावाद उक्तायलो. ताणें फ्रांसा कडेन भारताचे घट संबंद परतून सांगून संरक्षण, अणुऊर्जा, एआय, अंतरिक्ष आनी पर्यावरण ह्या मळार भागीदारी घटमूट करपाची इत्सा उक्तायली.

संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळांत कायमस्वरूपी सुवात मेळोवपा खातीर भारताचो धक्को डॉ जयशंकर हांणी परतून सांगलें. भारतांतल्या जायत्या कृतींचो हेर राश्ट्रांचेर सकारात्मक परिणाम जाता म्हणून भारत व्हडली भुमिका करपाक तयार आसा अशें तांणी सांगलें. शांतताय, प्रादेशिक समृध्दी आनी स्थिरताय तिगोवन दवरून संवसारीक मळार सक्रीय योगदान दिवपी भारताचें म्हत्व तांणी रेखांकित केलें.

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी स्वित्झर्लंड भेटी वेळार भारत-युरोपीय मुक्त वेपार संघटनेचे वेपार आनी अर्थीक भागीदारी कबलातीचेर जाल्ले चर्चेंत वांटो घेतलो. ह्या वेळार भारत आनी स्वित्झर्लंड हांचे मदीं वेपार आनी गुंतवणूक संद, भागीदारी आनी नव्या शक्यतायेविशीं चर्चा जाली अशें गोयल हाणी सोशल मिडिया पोस्टवरवी म्हणलां. संवसार भारताक सगळयांत नेटान वाडपी अर्थवेवस्था म्हणून पळयता आनी वेपार सुवीधा खातीर भारताची तोखणाय करता अशे प्रसार माध्यमां वांगडा उलयतना ताणी सांगलें.

केंद्र सरकारान दिल्ल्या मुळाव्या साधनसुविधा आदाराक लागून दिल्ली सरकाराचेर भलायकी आनी येरादारीचो भार उणो जावपाक मजत जाल्या अशें दिल्लीच्यो  मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हाणी  सांगलां. सध्याचें भारतीय जनता पक्षाचे सरकार आसूं वा आदलें आम आदमी पार्टी सरकार आसूं, केंद्रान दिल्ली सरकाराक सातत्यान आदार दिला अशे पत्रकार परिशदेंत उलयतना ताणी सांगलें,

वायव्य भारतांत चडांत चड तापमान 44 अंश सेल्सियस हुंपलां. भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन ह्या वाठारांनी उश्णताय ल्हारांखातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केला. फुडले दोन दीस जम्मू-काश्मीर, पंजाब, हरियाणा, दिल्ली, उत्तर प्रदेश, उदेंत राजस्थान आनी उत्तर मध्य प्रदेशांत उश्णताय ल्हाराची शक्यताय आसा अशें खात्यान सांगलां. हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण जम्मू-काश्मीर, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, राजस्थान, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ आनी उत्तर प्रदेशांतल्या जायत्या वाठारांनी चडांत चड तापमान दोन ते तीन अंश सेल्सियस वाडलां.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.